PANAJI

REGIONAL NEWS

23.09.2026 @ 7.20 PM

- मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत, पर्यटन मंत्री रोहन खंवटे आनी आमदार गोविंद गावडे हांणी आज लोकभवनांत 'सेवा संकल्प अभियान' सुरू केलें
- येरादारी कोंयडी कमी करपाखातीर आनी पर्वरी ते पणजी प्रवास सुलभ करपाखातीर सरकारान पर्वरी flyover वाठारातलो एक रस्तो परत सुरू केला
- अटल लसीकरण धोरण चालीक लावपी गोंय देशांतलें पयलें राज्य जालां अशे भलायकी मंत्री विश्वजीत राणे हांणी सांगला.
- गुजरातांत जाल्ल्या बाहत्तराव्या राष्ट्रीय चित्रपट पुरस्कार सुवाळयांत कोंकणी चित्रपट 'मोग आसूं' हाका सर्वोत्कृष्ट कोंकणी चित्रपट पुरस्कार फावो जाला

मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत, पर्यटन मंत्री रोहन खंवटे आनी आमदार गोविंद गावडे हांणी आज लोकभवनांत 'सेवा संकल्प अभियान' सुरू केलें. हि कार्यावळ दोनापावला पणजी लोकभवनात जाली. हें अभियान तरणाटे, बायलां, शेतकार आनी कारागीर हांका सक्षम करपाचें उद्देशान सुरू केलां, अशी माहिती मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी दिली. प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांच्या २०४७ मेरेन 'विकसित भारत' उबारपाच्या संकल्पने कडेन ह्या अभियानाचो संबंध आसा, अशें तांणी सांगलें.

येरादारी कोंयडी कमी करपाखातीर आनी पर्वरी ते पणजी प्रवास सुलभ करपाखातीर सरकारान पर्वरी flyover वाठारातलो एक रस्तो परत सुरू केला.येरादारी पोलिसांनी दिल्ल्या सूचने प्रमाण, आयज सावन मेरशे ते पर्वरी-कळंगुट दिशेन वचपी मोटारीक  मेरशे बाजून अटल सेतू वापरपाक परवानगी आसतली. मात, ह्या रस्त्यावेल्यान मोटरसायकली चलोवपाक परवानगी आसची ना. ह्या गाडयाक पर्वरी उड्डाणमार्गाच्या प्रवेशापयलीं, हॉटेल निओ मॅजेस्टिक लागीं अटल सेतूंतल्यान भायर सरपाक जाय.

अटल लसीकरण धोरण चालीक लावपी गोंय देशांतलें पयलें राज्य जालां. ह्या धोरणाक लागून गोंयची भलायकी वेवस्था आनीक घटमूट जातली. ते भायर भलायकी सेवा शिक्षणीक संस्थां मेरेन पावोवपी ''स्टेट केअर्स' या उपक्रमाची अंमलबजावणी  चालीक लावपी गोंय हें पयलें राज्य अशे भलायकी मंत्री विश्वजीत राणे हांणी सांगला.  byte: vishwajit rane

गोंय भलायकि संचालनालयान गोयांत  हे  लसीकरण धोरण २०२६-२०३६' सुरू केला. मंत्री विश्वजीत राणे हांणी आयज ह्या धोरणाचें उक्तावन केलें. ह्या धोरणा प्रमाण फकत ल्हान भुरग्यांक लसी दिवपाचें न्हय, जाल्यार मनशाच्या वेगवेगळया वयाच्या आनी भलायकीच्या दुयेसाप्रमाण लसीकरण करपाचो विचार आसा. ज्येष्ठ नागरिक, रोगप्रतिकारशक्ती उणी आशिल्ले लोक, अवयव प्रत्यारोपण जाल्ले रुग्ण, तशेंच गोडेमुत, काळजाचे दुयेती, काक्र आनी दीर्घकालीन फुफ्फुसांच्या दुयेसान बेजारिल्या  लोकांक ह्या लसीकरणा खातीर खासा प्राधान्य दितले.

गुजरातांत जाल्ल्या बाहत्तराव्या राष्ट्रीय चित्रपट पुरस्कार सुवाळयांत कोंकणी चित्रपट 'मोग आसूं' हाका सर्वोत्कृष्ट कोंकणी चित्रपट पुरस्कार फावो जाला. राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू हांच्या हस्तुकीं चित्रपटाच्या निर्मात्यांनी पुरस्कार स्वीकारलो.आग्नेलो ब्रागांझा आनी राधेश्याम पिपलवा हांणी दिग्दर्शित केल्लो 'मोग आसूं' हो चित्रपट प्रेम, विरह आनी नव्या आयुष्याची सुरवात ह्या भावनांचेर आधारिल्लो आसा.

गोंय सरकारान नागरिकांक सरकारी सेवा सुलभपणान मेळोवपाखातीर व्हॉट्स**ॲ**प आदारिल्ला कृत्रिम बुद्धिमत्ता, म्हणजेच एआय चॅटबॉट सुरू केला आसा.चॅटबोटाचे आयज मुखूलमंत्री प्रमोद सावंत हांच्या हस्तुकी औपचारीकपणान उक्तावण जाले.

गोवा ऑनलाइन पोर्टलाचेर उपलब्ध आशिल्ल्या एआय चॅटबॉटाचो विस्तार म्हूण हो व्हॉट्स**ॲ**प चॅटबॉट सुरू केला. व्हॉट्स**ॲ**पाचेर चॅट सुरू करून सरकारी सेवांची माहिती मेळोवप, अर्ज करप आनी अर्जाची स्थिती तपासप शक्य जातलें.
ही सेवा चोवीस तास उपलब्ध आसतली. ही सेवा वापरपाखातीर नागरिकांनी 9404858105 हो व्हॉट्स**ॲ**प क्रमांक आपल्या मोबायलांत जतन करून ताचेर “Hi” असो संदेश धाडचो.

गोंय अन्न आनी वखदां प्रशासनान रेस्टॉरंट, हॉटेल, मिठाई उत्पादक, केटरर्स आनी फास्ट-फूड विक्रेत्यांक कृत्रिम पनीर, मावा तशेंच हेर दुदाचे जिन्नसाक पर्याय वापरतात जाल्यार ताची स्पष्ट माहिती दिवपाची सूचना केल्या. FDA संचालक श्वेता देसाई हांणी सांगलें की, अशा जिन्नसाची म्हायती मेनू, डिस्प्ले बोर्ड, पॅकेजिंग आनी supply invoice चेर स्पष्टपणान नमूद करप गरजेचें आसा. हे नेम चालीक लावपाखातीर संबंधीत व्यावसायिकांक तीन ते चार दिसांची मुजत दिल्या. ह्या मुजतींत नेम पाळळे ना जाल्यार अशा खाणाच्या जिन्नसाचे नमुने घेवन तपासणी करप, साठो जप्त करप, दंड आनी कायदेशीर कारवाय जातली. ही सूचना कृत्रिम पनीर, चीज, खोवा, मावा, कलाकंद आनी हेर दुदाच्या जिन्नसाक लागु आसात. अशा पदार्थांची येरादारी आनी वितरण करतना ते थंड तापमानांत साठोवन दवरपाचो आदेशूय FDAन दिला .

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी भौशिक लोकसेवेंतली 25 वर्सा पुराय करतात; हो प्रवास 'जनसेवेतल्यान राष्ट्रसेवा' या मंत्रान आणि अविरत समर्पणाच्या भावनेन घडला. सेवा आणि सुशासनाच्या याच दृष्टिकोनातल्यान प्रेरित जावन, सरकार २०४७ मरेन 'विकसित भारत' हे उद्दिष्ट साध्य करपाक अथक यत्न करता. सर्वसमावेशक विकास आनी सामाजिक सक्षमीकरणाच्या माध्यमातल्यान ही निष्ठा लोकांची जीण बदलता. आयच्या आमच्या विशेष माळेत, ईझ ऑफ डुइंग बिझनेस म्हळयार 'वेवसाय सुलभता' ह्या येवजणे वरवी हो दृष्टिकोन कृतीत कसो हाडलो हाचे एक उदाहरण आम्ही सादर करता.

2014त वेवसाय करपाच्या सुलभतेच्या बाबतींत भारत जागतिक क्रमवारींत 142व्या सुवातेर आशिल्लो —नेपाळ आनी पाकिस्तानाच्याय सकयल. कंपनीची नोंदणी करपाक सुमार म्हयनो लागतालो. तीन राज्यांतल्यान वचपी एका ट्रकाक तीन वेगवेगळे कर भरचे पडटाले आनी प्रत्येक राज्याच्या शिमेर रावचे पडटाले.

GST न करांच्यो शिमो काडून उडयल्यो आनी दर एक consignment एकाच प्रणालींत हाडलें. डेडिकेटेड फ्रेट कॉरिडॉर्स, नव्यो एक्सप्रेसवे आनी बऱ्या रस्त्यांक लागून माल वाहतुकींत लागपी वेळ उणो जालो, आनी काउंटरवेल्या कागदपत्रांची सुवात डिजिटल मंजुरीन घेतली.

11व्या आयुर्वेद दिसा निमतान नॅशनल इन्स्टिट्यूट ऑफ वॉटरस्पोर्ट्स – इंडियन इन्स्टिट्यूट ऑफ टूरिझम अँड ट्रॅव्हल मॅनेजमेंट  गोंय हांणी इंडिया टूरिझम ऑफिस, गोंयच्या सहकार्यान "आयुर्वेद फॉर अ हेल्दीयर Tomorrow)" ह्या विशयाचेर खाशेली जागृताय आनी गिन्यानाचे आदान-प्रदान कार्यावळ घडोवन हाडली.आयुर्वेदाचें म्हत्व आनी निरोगीपण, प्रतिबंधात्मक भलायकी आनी वैजकी पर्यटन ह्या मळार ताचें वाडत वचपी म्हत्व हांचे विशीं विद्यार्थ्यांक आनी भागधारकांक संवेदनशील करप हो ह्या कार्यावळीचो हेत आशिल्लो. तशेंच भारताच्या 'निरोगीपण पर्यटनांत' आयुर्वेदाची अभिन्न सुवात आनी समग्र भलायकी वाडोवपाची ताची भुमिका हांचेरय ह्या अधिवेशनांत भर दिलो.

भारतीय जनता पक्षान संघटनात्मक फेरबदल करत, गोयाच्या पक्ष प्रभारी म्हणून राष्ट्रीय उपाध्यक्ष डॉ. भारती प्रवीण पवार हांची नेमणूक केल्या. राष्ट्रीय सचिव अनिल अँटोनी हांची गोयाचे सहप्रभारी म्हणून नेमणूक जाल्या.
भाजपाचे राष्ट्रीय अध्यक्ष नितीन नबीन हांणी 36 राज्यां आनी केंद्रशासित प्रदेशांखातीर पक्षाचे प्रभारी आनी सहप्रभारी जाहीर केले. ह्यो सगळयो नेमणुको तात्काळ पणान लागू जाल्यात.
महाराष्ट्राखातीर भाजपाचे राष्ट्रीय उपाध्यक्ष बैजयंत जय पांडा हांची प्रभारी म्हणून नेमणूक जाल्या. अमित मालवीय, गोयाचे राज्यसभा खासदार सदानंद शेट तानावडे आनी कमलजीत सहरावत हांका सहप्रभारी म्हणून जबाबदारी दिल्या.

ह्या संघटनात्मक फेरबदलांत काय नेत्यांक दोन राज्यांची जबाबदारी दिली आसा. अनिल अँटोनी हांचेर गोयाच्या सहप्रभारीपदासयत नागालँडाच्या प्रभारीपदाची जबाबदारी दिल्या.

सॉफ्ट टेनिसपटू जय मीना हाणे दादल्यांच्या एकोडी  प्रकारात कांस्यपदक जिंकले आणि सॉफ्ट टेनिसात आशियाई खेळा स्पर्धेत पदक जिंकपी  तो भारताचो पयलो  खेळगडो थारला

गोय वेधशाळेन दिल्या माहिती प्रमाण राज्यात मुखावेले चार दिस हल्को ते मध्यम प्रमाणत पावस पडू येता.आज आनी फाल्या गडगड आनी झग्लावण्या सयत वराक 30 ते 40 किमी वेगान वारे व्हाव्पाची शक्यताय वेधशाळेन उक्ताय्ला आणि हळदुवी शिटकावणी जारी केल्या